वि . वि . म

रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमीक विद्यालय

कोंब मडगांव गोंय

# Preliminary Exam December 2024

यत्ताः बारावी

विशयः कोंकणी

तारीखः १७|१२|२०२४ वेळः ३ वरां

सुचवण्योः गुणः ८०

1. दरेका प्रस्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .
2. प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
3. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात .
4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.
5. प्रस्न क्रमांक 6,7,8,9,10,11,15आनी 27 हया प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

## विभाग अ (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

1. लेखक दिपकावणेच्या वेळार मुखार -मुखार कित्याक धांवतालो? 1
2. अब्दुल कलामान जिणेंतली पयली जोड कशी जोडली? 1

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

3. पानां .........मारता मोखून
   वाऱ्यावांगडा........ पिसो 2

   ( पिंपळ ,वड, पोवनां, भांगर )

4. माजर बसलां ........राखीत
   ........ म्हसरां हांबे हांबे 2

   ( गोठ्या, दार, घरा, हुमरो, )

5. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परतून बरयात :

| क | ख | |
|---|---|---|
| (i) कारवार : एक सोबीत वाठार | • श्री. भूषण भावे | 1 |
| (ii) सैमाकडेन इश्टागत | • श्रीमती सुमन सामंत | 1 |
| (iii) रचना -एक कला | • श्री. दामोदर मावजो | 1 |
| | • श्री. यशवंत पालेकार | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयातः

6. कवी मुळां आनी कुंडयो हया प्रतिकांतल्यान किते सुचीत करता? 3

वा

' एक हावेस ' हया कवितेंत कवी कसलो हावेस उक्तायता ?

7. कवीन होळये रातीचें वर्णन खंयच्या उतरांनी केलां ? 3

वा

वसंत ऋतूच्या आगमना उपरांत वाठारभितर खंयचो बदल जाता ?

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयातः

8. गोकुळाचें काळीज कांटयान कोंचायिल्लेवरी कित्याक जाले ? 4

वा

जिवीक आनी अ जिवीक कोयर म्हणल्यार किते ते दरेकाच्यो देखी दिवन सांगात?

9. दिसता तशें नासता रे बाबा अशें जाण्टेलो कित्याक म्हणटा ? 4

वा

विद्यार्थ्याक आदर्श नागरीक घडोवपांत शिक्षणाचें म्हत्व कितले आसात तें सांगात .

सकयल दिल्ल्या पद्यांशाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात 4

10. धोल घुमट नासतना, गरनाळीचो नाद ना
पेपाऱ्यांचो साद ना , आपल्या पेल्या वाद ना
काजराचे गायन गाजों कोगळी गळयांत

वा

म्हज्या घराकुशीक शेजारी
माया ममतेचे पुजारी
उल्याक धांवप
गरजेक पावप

सकयल दिल्ल्या विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 5

11. 'कोण पेज ? लोक? काय तुमी , तांचे फुडारी?'

वा

'नाका रे सायबा ,म्हाका तुजे हुमले खायत .'

# विभाग ब (व्याकरण)

सकयल दिल्ली _वाक्यां कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात.

12. रमेशाक कोणूच वळखीचे नाशिल्ले . (हयकारी करात) 1

13. नाशिल्लो हक्क सांगून युध्द आनी संव्हार नाका. ( प्रस्नार्थी करात ) 1

14. आयतारा दिसा (कारवार) सांते बाजार भरता.
(कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात ) 1

15. जिणे पध्दतीन बरयल्लो अर्ज वाचतल्याच्या मनार चड परिणाम करता .
(भविश्यकाळांत करात ) 1

वा

तुमी फुडल्या वर्सा गेल्यार जायना ? (आज्ञार्थी करात)

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात.

16. अभ्यासांत विद्यार्थ्यांची फावो ती प्रगती जायना ते पोळोवन शिक्षकांक हुस्को जालो. 1

17. वाडट्या शारीकरणाक लागून गोयची सैमीक सोबीतकाय नश्ट जाल्या . 1

( तकालस घेवप , मातयेभरवण जावप , मौनाक वाचा फोडप , जिवाक गोळ लागप )

सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाची उतरां बरयात.

18. प्रतिकूल 1

19. मोटवें 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

20. स्रम 1

21. अणभव 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात.

22. कुच्छित्री 1

23. गोड 1

24. शांत 1

सकयल दिल्ल्या ओपारींचो अर्थ बरयात.

25. देखलें मडे आयलें रडें 1

26. बोट दिल्यार हात गिळटा 1

27. सूंब जळळे पूण पीळ वचना 1

वा

धरल्यार चाबता सोडल्यार पळटा

सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो ते रुप रित्या सुवातींनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. 4

28. शामी च्या______ . म्हगेली उरिल्ली च्या सोंपोवची म्हूण हांव चिक्राक हात________ . सट्ट करून हात ________ - चिक्र उमथता - च्या वारवता. शामी सडसडीत आंगसो हाडून च्या पुसून ________.

( बसप , काडप , सोपप , चलप , घालप , आसप )

29. 'जिणें पध्दतीतले बदल आनी वाडटी दुयेसां ' हया विशयाचेर दोतोर/पेशंट हांची मदी जाल्लो संवाद सुमार 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

30. विशाल उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'लोकनाच सर्त' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका / आपवणे तयार करात. 5

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

कलाकार हो शिकोवन तयार करूंक येना,तो जल्मानूच कलाकार आसचो पडटा, अशें म्हणटात. हे म्हणणे सारकें न्हय.ज्या मनशाक कलाकार जावपाची प्रामाणीक इत्सा आसता,ताणें यत्न केले जाल्यार तोवूय एक बरो कलाकार जावं येता आनी आंगांत प्रतिभा आसुनूय अभ्यास वा यत्न नाशिल्ल्यान खंयचोय कलाकार फुकट वचूं येता.
कलाकराची तुलना लेखक सदांच झाडाच्या बिंया कडेन करता. बी बरें आसलें म्हणून झाड वयर सरना , फुलना ,फळना. तें वयर काडचे खातीर वाटे वयल्या आडांगी भुरग्यांच्या आनी गोरवां जनावरांच्या तोंडांतल्यान ताका राखण दिवची लागता.तशेंच कलेचें . देखून बरो कलाकार जातलो जाल्यार निखटी प्रतिभा आसून भागना . ताणें कलेची साधना करचेली गरज आसता. प्रतिभा म्हणल्यार बी. जमीन म्हणल्यार कलाकारांचे मन . तें जितलें संवेदनक्षम ,जितलें अणभव समृध्द , तितली बियांक मेळिल्ली भूंय सुपीक अशें म्हणूं येत. झाड वयर काडूंक मनीस जशी जतनाय घेता तशीच जतनाय कलाकारान आपले कलेची साधना करून घेवंक जाय.

प्रस्नः

31. मनीस एक बरो कलाकार केन्ना जांव येता ? 1

32. खंयचोय कलाकार फुकट कसो वचूं येता ? 1

33. लेखक कलाकाराची तुलना कोणाकडेन करता ? 1

34. बरो कलाकार जावपा खातीर कितें करूंक जाय? 1

35. उताऱ्याक फावो सारको माथाळो दियात . 1

36. शोभा/विरेंद्र सावंत, घर नं.२०१ , रायबंदर , गोंय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात. 5

| गरज आसा |
|---|
| वार्ताहर (Reporter)<br>शिक्षणीक पात्रतायः बारावी पास<br>टंकलेखन (टायपींग) येवप गरजेचें<br>संगणकाचें गिन्यान<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br>अणभव : उण्यांत उणें एक वर्स<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्कः संपादक<br>भांगरभूंय<br>पणजी गोंय. |

37. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात. 8

- आत्मविश्वास हेंच खरें बळगें
- हांव पक्षी आशिल्लो जाल्यार
- रानभोंवडेचो एक दीस
- एका वाचनालयाची आपजीण

*****************